राष्ट्रीय खबरो

31.05.2025 @ 6.30 pm

Modi pehelgam

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला की, पहलगामातलो दहशतवादी हल्लो हो भारताच्या बायला शक्तीक आव्हान आशिल्ले आणि तो गुनयावकारांक मृत्युदंड थारलो. भोपाळत एका जाहीर सभेत उलयताना ताणी म्हणले की, भारत कसल्याच प्रकारचे छुपे झुज सहन करचोना आणि अशा दहशतवादी कृत्यांक कडक प्रत्युत्तर दिवपाक कटिबद्ध आसा.

ताणी म्हणले की ऑपरेशन सिंदूर हे भारताच्या शौर्याचे प्रतीक जाला. दहशतवाद्यांनी बायला शक्तीक आव्हान दिले. हे आव्हान त्यांच्या खातीर आणि त्यांच्या मालकांक घातक ठरले. आमच्या सैन्यान शेकडो किलोमीटर अंतरार आशिल्या शत्रूच्या घरात घुसून त्यांचे दहशतवादी अड्डे उद्ध्वस्त केले. ऑपरेशन सिंदूर ही भारताच्या इतिहासात ली आतापर्यंतची सगळ्यात व्हड यशस्वी कारवाई आसा अशे मोदी हाणी म्हणले.

मध्य प्रदेशाची राजधानी भोपाळांतल्या जंबूरी मैदानांत लोकमाता देवी अहिल्याबाईच्या 300व्या जयंतीच्या निमतान आयोजीत केल्ल्या बायलां सशक्तीकरण परिशदेक प्रधानमंत्री उलयताले.

मुर्मू 30

राष्ट्रीय मागासवर्गीय आयोगान २०२२-२३ आणि २०२३-२४ या वर्षां खातीरचो वर्सुकी अहवाल राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांका सादर केलो. अध्यक्ष हंसराज गंगाराम आणि राष्ट्रीय मागासवर्गीय आयोगाचे सदस्य भुवन भूषण कमल हाणी .हे अहवाल राष्ट्रपती मुर्मूक सुपूर्द केले.

नड्डा 70

कोणेय भारताचेर नदर दवरली जाल्यार ताका ताच्या घरांत घुसून जाप दितले हें ऑपरेशन सिंदूरांतल्यान सिध्द जालां अशें केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जे.पी.नड्डा हांणी सांगलां. आयज जयपूर पावले उपरांत नड्डा जयपुरा लागसार भाजपा कार्यकर्त्यांक संबोधन करताले. ऑपरेशन सिंदूराचो उल्लेख करून तांणी सांगलें,की भारताचे कारवायेक लागून पाकिस्तान चार दिसांनी शरण आयलें. हाचे वयल्यान भारतीय सैन्याचें बळगें, तांची शौर्य, तांचें विचार आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची फुडारपणाची तांक दिसून येता अशें नड्डा हांणी सांगलें.

आयुष 80

तरणाटे वेव्हार आनी खेळां मंत्रालय वखदां खात्या वांगडा सहकार्यान आयतारा औषधी केंद्र अनुभवात्मक शिक्षण कार्यावळ सुरू करतले. ह्या 15 दिसांच्या कार्यावळी खाला देशभरांतल्या दरेका जिल्ह्यांतल्या पांच जनऔषधी केंद्रांनी पांच तरणाटे स्वयंसेवकांची नेमणूक जातली. स्वयंसेवक वेगवेगळ्या जापसालदारक्यांनी वांटो घेतले, तातूंत दिसपट्ट्या कार्यावळींनी मदत करप, इन्व्हेंट्री आनी वखदां वेवस्थापनाक आदार दिवप, आनी जेनेरिक वखदां विशीं जागृताय करप आनी भौशीक भलायकी साक्षरता वाडोवप हांचो आस्पाव जाता. जन औषधी केंद्रांत तरणाटे स्वयंसेवकांचो आस्पाव करून हो कार्यक्रम फकत प्रत्यक्ष शिक्षणाक चालना दितलोच पूण सेवा, शिस्त आनी समुदायाभिमुख व्यावसायिकतेची मुल्यांय रुजतली.

राजेश 80

संरक्षण सचिव राजेश कुमार सिंह हाणी म्हणला की, संरक्षण क्षेत्रातली आत्मनिर्भरता ही फक्त देशाची धोरणात्मक स्वायत्तता सांबाळ पाकच न्हय तर विकसित भारताचे व्यापक ध्येय साध्य करपाक लेगीत महत्त्वाची आसा. नवी दिल्लीत संरक्षण परिषदेत उलयताना ताणी म्हणले की, २०१५ त भारत अव्वल आयातदार आशिल्लो तेन्ना सावन आज तो अव्वल २५ निर्यातदारांपैकी एक जाला.

मोना 50

नेमबाजीत भारताच्या मोना अग्रवालान दक्षिण कोरियातल्या चांगवॉन २०२५ च्या पॅरा शूटिंग वर्ल्ड कप सर्तीत बायलांच्या पीर - १० मीटर एअर पिस्तूल एसएच१ सर्तीत रुप्या पदक जिंकले . २०२४ च्या पॅरिस पॅरालिम्पिक कांस्यपदक विजेत्या अवनी लेखरान २४६.६ गुण मेळयले. पॅरालिम्पिक चॅम्पियन अवनी लेखरा चौथ्या स्थानार उरली, तर भारतीय नेमबाज आर.एस. उन्हालकरन सर्तीत सातवे स्थान पटकायले.

हवामान 130

भारतीय विभागान मुखावेल्या २-३ दिसांत देशाच्या पूर्व, पश्चिम, मध्य आणि ईशान्य भागात घोग्यांनी ते अति घोग्यांनी पावसाचो अदमास दिला आयएमडीन म्हणला की सोमार मेरेन उप-हिमालयीन पश्चिम बंगाल, सिक्कीम, आसाम, मेघालय, अरुणाचल प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोरम आणि त्रिपुरात घोग्यांनी ते अति घोग्यांनीपाऊस पडपाची शक्यता आसा. फाल्या मेरेन कर्नाटक, केरळ, माहे, कोकण आणि गोयात असोच  पाऊस पडपा चो अदमास आसा.

-------------